Regional news 14 feb 2025….7.20pm

1मंत्री सुभाश फळदेसाय

गोंय हे दीव्यांग व्यक्तींक सक्षम करपी देशातले पयले model राज्य करपाच्या दीखेन सरकार काम करता अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.राज्यातल्यो भौशीक सुवाती तशेच सरकारी इमारती दीव्यांग व्यक्तींक लागपी साधन सुविधा सयत सुसज्ज करपाचे काम सुरू जाला.हे काम CSR माध्यमातल्यान करता अशी म्हायती मंत्र्यान दीली.तंत्रगीन्यानाचो उपेग दीव्यांग मनशांक रोजगार मेळवपाच्या नदरेतल्यान करून तांका सक्षम करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला अशे मंत्री फळदेसाय हांणी सांगले.गोय सरकाराच्या दीव्यांग व्यक्तीचे आयोगावतीन आयज समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसायाच्या हस्तुकी 10 दीव्यांग मनशांक e-rikshaw दीवपाची कार्यावळ आयज जाली.गोवा मायल्स कंपनीकडे कबलात करून ह्या e -rikshaw मेळील्या लाबार्थ्यांक रोजगार मेळपाच्या हेतान कबलात करून सरकारान दीव्यांग मनशांक सक्षम करपाच्या हेतान हो उपक्रम चालीक लायला.ह्यावेळार गोंय राज्य दीव्यांग व्यक्तीचे आयोगाचे अध्यक्ष गुरूप्रसाद पावसकर,संचालक वर्शा नायक,गोवा मायल्स कंपनीचे वांगडी उत्कर्श दाबाळे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले

2.असोळणा

मडगाव: वेळ्ळी मतदारसंघाच्या असोळणा ह्या पंचायतीचे २ कोटी ४० लाख रुपये खर्चुन रोखडेच नवे पंचायत घर उबे जातले.वेळ्ळीचे आमदार क्रूझ सिल्वा हांणी ही म्हायती दिली. आयज सिल्वा हांचे हस्तुकी ह्या प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयिलो. एका वर्साच्या भितर हे पंचायत घर बांदून पुराय जातले अशे तांणी सांगलें.

सुमार एक हजार चौखण मीटर सुवातेत हो प्रकल्प येता. तीन मजली ही इमारत आसून तळमजल्यावर दुकानां, पयल्या मजल्यार पंचायतीचे कार्यालय जाल्यार दुसऱ्या मजल्यार गावाखातीर सभाघर अशे बांदकामाचे स्वरुप आसून दीनदयाळ पंचायती राज साधन सुविधा उदरगत २०१३ हे येवजणेखाला हे बांदकाम हातात घेतला अशी म्हायती तांणी दिली.

3..नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी, गोवा कॅम्पस

नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी, गोवा कॅम्पस, हानी अमेरिकेंतल्या फ्लोरिडा मियामीच्या एफआययूच्या सहकार्यान 14-15 फेब्रुवारी 2025 ह्या दोन दिसाच्या  संचारण आनी संगणकीय तंत्रज्ञानाचेर सातवी आंतरराष्ट्रीय परिशद (आयसीसीसीटी 2025) घडोवन हाडल्या. सायबर सुरक्षा, डिजिटल फॉरेंसिक, आनी  एआय ह्या मळार जावपी  प्रगतीचेर हे परिशदेंत भर दितले आनी ताची कार्यवाही स्प्रिंगर एलएनएनएसांत उजवाडाक येतली.आयज 14 फेब्रुवारी 2025, सकाळीं

एनएएफएसयू, गोवा कॅम्पसांत ह्या परिशदेचे उक्तावण जाले. ह्या वेळार नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी, गोयचे संचालक डॉनवीन कुमार चौधरी, मुखेल सोयरे म्हूण बिट्स

पिलानी गोयचे संचालक डॉ. सुमन कुंडू, सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. लोकेश चौहाण, वरिश्ठ सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. जगदीशचंद बन्सल हाजिर आशील्ले. मानेस्ताच्या हस्तुकी समई प्रज्वलित करून कार्यक्रमाचे उद्घाटन जाले.

ह्या वेळार डॉ.नवीन कुमार चौधरी हानी येवकराचे उलोवप आणि प्रास्ताविक केले. ह्या वेळार उलयताना डॉ. जगदीशचंद बन्सल हानी संचारण आनी संगणकीय तंत्रज्ञानाचेर जाल्या नवीन पद्दितीची आणि संशोधन विषयाची

माहिती दिली.सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. लोकेश चौहाण हानी परिशदेचो अहवाल सादर केलो.ह्या परिशदेत वट्ट 1061 प्रबंध सादर जाल्ले. आणि 197 प्रबंध ग्राह्य जल्ल्याचे सांगले. मुखेल सोयरे डॉ. सुमन कुंडू हानी आपल्या उलोवपात नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटीक गोयांत ही परिषद आयजित केल्ल्या खातिर परबी भेटयली. कोविडच्या काळात डिजिटल पदतीचे महत्व लोकांक कळले आणि ह्या काळात तांत्रिक वाड जाली. तंत्रज्ञान आयज समाजातल्या प्रत्येक घटकाक महत्वाचे जाला. प्रत्येकान ह्या गिनयानाचो फायदो करून घेवचो अशे आवाहन केले. सायबर सुरक्षा, डिजिटल फॉरेंसिक,

आनी एआय ह्या मळार दिसांनदिस जावपी प्रगतीचेर विद्यार्थ्यांनी अपडेट जावप गरजेचे अशें म्हळे.प्राध्यापक एन पी वाघमारे हानी उपकराचे उलोवप केले. तर डॉ. श्वेता निधी हानी सूत्रसंचलन केले.

4..म्हापशेंची नगराध्यक्ष

म्हापशें, प्रतिनिधी ः म्हापशेंची नगराध्यक्ष डॉ. नूतन बिचोलकार हांणी सत्ताधारी गटांतले कबलाती प्रमाण पदाचो राजिनामो दिलो. आतां प्रिया मिशाळ हांकां नगराध्यक्षपद घेवपाची शक्यताय आसा.

शुक्रारा 14 तारखेर सकाळीं उपसभापती जोशुआ डिसोझा हांची तांचे घरां भेट घेतले उपरांत तांच्या सल्ल्या प्रमाण डॉ. नूतन बिचोलकार हांणी नगरपालिका संचालनालया कडेन आपलो नगराध्यक्षपदाचो राजिनामो सादर केलो.23 फेब्रुवारी 2024 दिसा डॉ. बिचोलकार नगराध्यक्ष पदाचेर विरोधा विणें वेंचून आयिल्ली. सत्ताधारी गटांत नगराध्यक्ष आनी उपनगराध्यक्ष हांचीं पदां विभागून घेवपाची अलिखीत कबलात जाल्ली. ते प्रमाण बिचोलकार हांची एक वर्सा खातीर ह्या पदाचेर निवड जाल्ली.जानेवारीचे सुरवेक उपसभापती जोशुआ डिसोझा हांचे कडेन सत्ताधारी गटाची बसका जाल्ली. त्या वेळार चडशा नगरसेवकांनी डॉ. बिचोलकार हांच्या वागणुकेचेर नाराजगी उक्तायली. नगराध्यक्ष आनी नगरसेवक हांचे मदीं सकारात्मक संवाद जावंक नाशिल्ल्यान पालिका मंडळाच्या बसकांनी वैचारीक वादविवाद जावपाक लागले. हाका लागून जानेवारीच्या निमाणे मेरेन नगराध्यक्षपदाचो राजिनामो दिवपाची सुचोवणी डॉ. बिचोलकार हांकां उपसभापती हांणी

दिल्ली.इतलेंच न्हय तर कंत्राटी नोकर भरती आनी अलंकार थेटर लागसारची दोन दुकानां एकूच आशिल्ल्याचें सांगून ह्या दुकानांचें कबलात पत्र नूतनीकरण करपाच्या बेकायदो प्रकरणावेल्यान पालिका मंडळाच्या सत्ताधारी गटांत मतभेद निर्माण जाल्ले. देखून पालिका मंडळाच्यो सेगीत तीन बसका फुडें धुकलपाची पाळी नगराध्यक्षांचेर आयली. जाल्यार चवथे बसकेंत 20 तल्या 14 नगरसेवकांनी बहिश्कार घालो. ताका लागून पालिका मंडळा भितरले मतभेद मुखार आयले.

5.फोंडाच्या लायन्स क्लब

फोंडाच्या लायन्स क्लब ऑफ फोंडा आनी गोवा शिपयार्ड हांणी दक्षिण गोंयांतल्या क्षयरोग दुयेंतींक  फेब्रुवारी महिन्यात फुकट जिवीत गरजेचीं वस्तूचे वाटप केले. दक्षिण गोंयांतल्या भलायकी केंद्रांच्या सुमार 111 दुयेंतींक हीं जिवीत गरजेचीं वस्तू  दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या निक्षय मित्र ह्या येवजणे खाला तशेच गोंय शिपयार्डाच्या सीएसआर येवजणे खाला दर महिन्याक क्षयरोगी दुयेंतींक गरजेच्यो वस्तू वांटतात, ही कार्यावळ दक्षिण गोंयांतल्या चिखली, लोटोली, कुठाली, फोंडाचे आयडी हॉस्पिटल आनी दक्षिण गोयातल्या हेर आरोग्य केंद्रांत चालीक लायली. ह्या वेळार  गोंय शिपयार्डाचे मुखेल भलायकी अधिकारी  डॉ. वेदपाल तारी, गोवा शिपयार्डचे मार्क गोनसल्विस, चिखली भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. सुजाता कामत, फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष मनीष धारेश्वर, सचिव दुर्गप्रसाद पै, सुदेश बोरकर,  आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोंय शिपयार्डांतल्यान

जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें  डॉ.वेदपाल तारी हांणी सांगलें, क्षयरोग दुयेंतींक ल्हान ल्हान मजत मेळोवपा खातीर फाटल्या वरसा  सावन लायन्स क्लबाचे सहकारान सतत ही कार्यावळ चालीक लायतात अशें तानी सांगले.ह्या वेळार उलयतना अध्यक्ष मनीष दरेश्वर हांणी फोंडा लायन्स क्लबच्या कार्याची माहिती दिली.  मूखार उलयताना तानी  सांगलें की लायन्स क्लबाचें काम समाजाच्या जायत्या घटकांक मजतीच्या रुपान संवसारभर चालू आसा आनी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या लायन्स क्लबांनी समाज उपयोगी कामां सतत चलतात. ह्या वेळार उलयतना तांणी लायन्स क्लबाचे वांगडी समाजांतल्या अंत्योदय तत्वा मेरेन मदत पावपाचें काम सदांच करतात आनी अंदू वर्सा फोंडा लायन्स क्लब आपलो साठावे वर्स मनयता देखून फुडाराक फोंडा लायन्स क्लब कडल्यान जायत्यो समाज उपेगी कार्यावळी चालीक लायतले अशेंय तांणी सांगलें. ह्या वेळार उलयतना सुदेश बोरकर हांणी सांगलें की, लायन्स क्लब ऑफ फोंडा , पंचक्रोशींत जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात.

6.गोंयचे सुपुत पंडीत

गोंयचे सुपुत पंडीत प्रभाकर कारेकार हांणी  शात्रीय संगीतात दील्ले योगदान महत्वाचे आसा.तांणी तिंच्या गायनातल्या कलेतल्यान संगीत रसिकांच्या मनाचेर राज्य केले,तशेंच शास्तीय संगीतातल्यान संसारभर  नांव जोडले अशे मत कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी व्यक्त केला.तू पंडीत प्रभाकर जर्नादन किरेकार

हांका आर्गा ओपपाच्या कार्यावळीत उलयताले. ह्यावेळार संगीत मळावेले तशेंच नाटक मळावेले मानेस्त तशेच हेर क्षेत्रातले कलाकार,जाणकार, पंडीत प्रभाकर कारेकार हांचे स्नेही हाजीर आशील्ले.ह्या मान्यवरांनी पंडीप कारेकारांकडे तांच्यो आशील्यो यादी,अणभव, तांचू संगीतातले योगदान हे वींशी ह्यावेळार उलोवप केले.पंडीत प्रभाकर कारेकार हांच्या जीणेचेर आधारीत म्हायतीपट ह्यावेळार दाखयलो.पंडीत प्रभाकर कारेकार हांका ह्यावेळार मानेस्तांनी आर्गा ओपली.ही कार्यावळ कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सभाघरात जाली.पंडीत प्रभाकर कारकार हांका बुधवारा स्वादुपिंडाच्या दुयेसाक लागुन मरण आयले जाल्यार बिरेस्तारा तांच्या कुडीचेर मुंबय दादर शिवाजी पार्कात नीमणे संस्कार जाले.ते 83 वर्सा पिरायेचे आशील्ले

7.दामु नायक

वास्को - भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचें मुखेली दामु नायक दिल्ली भेटी वेल्यान आयज दनपारां गोयांत पावले. दाबोळेच्या अंतरराष्ट्रिय विमानतळाचेर देवल्या उपरान्त खबराकारांकडेन उलयताना ताणें म्हळा, की अध्यक्ष जाल्या उपरान्त केंद्रीय घरमंत्री अमिता शां बरोबर ही पयलीच भेंट आशिल्ली. आपणाल्या दिल्ली भेटीन संघटनात्मक विशयाचेर खाशेली चर्चा जाली. तेच बरोबर पक्षाचे काम कशे तरेन मुखार व्हरपाचें हाचेरूय घ्यावेळार चर्चा जाल्ल्याची म्हायती

भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्याचें मुखेली दामु नायक हाणें दिली.

8.भूमिपूत्र सेवा संघटणा

भूमिपूत्र सेवा संघटणा आनी कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या जोड पालवान आयतारा १६ तारखेक युवा आदिरंगोत्सव कार्यावळीचे आयोजन केलां. फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात हो दिसभराचो सांस्कृतिक कार्यक्रम जातलो अशी म्हायती भूमिपूत्र सेवा संघटणा संस्थेचे अध्यक्ष डॉ. वेंकू गावडे हांणी दिली. सकाळी धां वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक विधानसभा सभापती रमेश तवडकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. सांजे ५ वरांचेर जावपी समारोप सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत , कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हाजीर रावतले अशी म्हायती जाळवणदारानी दिली. ह्या युवा आदीरंगोत्सवांत वेगवेगळ्यो सर्ती आनी आकर्शक इनामां आसात अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

9.डॅनियली मॅकलॉग्लीन  खून प्रकरणात विकट भगत दोशी

मडगाव: ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रकरणात आयज या प्रक़रणातलो दुबावीत विकट भगत हाका दोशी थारायलो. दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांणी आयज भगत

हाका खून करप, बलात्कार करप आनी पुरावे नश्ट करपाच्या आरोपाखाला दोशी थारायलो. सोमारा ह्या दुबाविताक ख्यास्त फर्मायतले.

१७ मार्च २०१७ ह्या दिसा राजबाग-काणकाेण हांगा ह्या ब्रिटीश पर्यटक युवतीचो खून जाल्लो. तिचो गळो दाबून खून केल्ल्याचे पोस्टमार्टम तपासणेत सिद्ध जाल्ले. ह्या प्रकरणात उपरांत काणकोण पुलिसांनी विकट भगत हाका अटक केल्ली. आयज निमाणो युक्तीवाद करताना सरकारी वकील देवानंद कोरगावकर हांणी हे खून प्रकरण हे मनीसजातीक काळे लावपी आशिल्ल्यान विकट भगत हाका फाशीची ख्यास्त दिवची अशी मागणी केली. जाल्यार दुबाविताचो वकील ॲड. अरुण ब्राझ डिसा हांणी आपल्या अशिलाआड कसलेच ठोस पुरावे नात हे मतीत धरून ताका कमीत कमी ख्यास्त दिवची अशी मागणी केली.